गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्र. 8, वर्स 2019**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27.09.2019 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी/विज्ञानीक पदां खातीर , कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशे ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. भलायकी सेवा संचालनालय

**1. वरिश्ठ शल्यचिकित्सक (Senior Surgeon) ......1 पद (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 1 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुस रे वळेरींत वा तिस रे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिस रे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी, ना जाल्यार संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर डिप्लोमा आसूंक जाय . (iii) पदव्युत्तर पदवी मेळळ्या उपरांत संबंदीत विशेश तायेंत जापसालदार केच्या पदाचेर 3 वर्सां कामा चो अणभव आसूंक जाय वा पदव्युत्तर डिप्लोमा मेळळ्या उपरांत 5 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** मराठीचें गिन्यान.

## II. उच्च शिक्षण संचालनालय

**2. सरकारी महाविद्यालयांत कोंकणीचो सहाय्यक प्राध्यापक ( Assistant Professor in Konkani in Government College) .... 1 पद (तिसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय:** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी वा भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत तत्सम ग्रेडींत मास्टर्स पदवी स्तर वा उण्यांत उणे 55 % गुणां सयत बरो शिक्षणीक वावर. (ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुके खातीर आवश्यक आशिल्ली राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET)/ राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसा. तथापी, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, म्हाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवयश्यकतायेची सूट दितले.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :- (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी. वा एम. फिल. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## III. उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय

**3. नियोजन अधिकारी (Planning Officer) ....... 2 पदां [1 पद हेर मागास वर्गा खातीर आरक्षीत] (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** रू.9,300-34,800+4,600/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अर्थशास्त्र विशयांत मास्टर पदवी (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :- (i) वेवसाय वेवस्थापन विशयांत पदव्युत्तर पदवी (ii)मराठीचें गिन्यान.

## IV. गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय

**4. वास्तूशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Architecture) ..... 1 पद [हेर मागास वर्गा खातीर आरक्षीत]**

**वेतन श्रेणीः** रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) वास्तुकलेंत पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर वा मास्टर पदवी वा तत्सम, एक तर

बॅचलर वा मास्टर पदवीचे समान (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः** (i) मराठीचें गिन्यान.

## गोंय फार्मसी महाविद्यालय

**5. सहायोगी प्राध्यापकः (Associate Professor)**

**(i) फार्मास्युटिकल रसायनशास्त्र (Pharmaceutical Chemistry) ....... 1 पद**

**(ii) फार्मास्युटिकल्स (Pharmaceutics) ....... 1 पद**

**वेतन श्रेणीः** रू. 37,400-67,000+9,000/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) फार्मासींत पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर वा मास्टर पदवी वा तत्सम एक तर बॅचलर वा मास्टर पदवी आनी योग्य त्या विशयांतल्यान पीएच.डी वा तत्सम. (ii) शिकोवप/संशोधन/ उद्देगीक क्षेत्रांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय जातूंत 2 वर्सां पीएच.डी पुराय केल्या उपरांत 2 वर्सांचो अणभव आवश्यक आसा. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः** (i) मराठीचें गिन्यान. (ii) पीएच.डी उपरांत केल्लीं प्रकाशनां आनी पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केल्लें अती आवश्यक आसा.

## VI. गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय

**6. इलॅक्ट्रीकल आनी इलॅक्ट्रॉनीक अभियांत्रिकेंत सहयोगी प्राध्यापक ( Associate Professor in Electrical & Electronics Engineering) ....... 1 पद**

**वेतन श्रेणीः** रू. 37,400-67,000+9,000/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच.डी वा तत्सम. ( जे व्यक्तीन पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलां आनी जांणी पीएच.डी उपरांत प्रकाशनां केल्लीं आसात, हें अती आवश्यक आसा.) (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाच्या योग्य त्या शाखेंतल्यान पयले श्रेणीची बी.ई ( B.E.) / बी.टॅक ( B.Tech.) वा ऍम.ई (M.E.) /ऍम.टॅक (M.Tech.) वा तत्सम एक तर (B.E.) / बी.टॅक ( B.Tech.) वा ऍम.ई (M.E.) /ऍम.टॅक (M.Tech.) पदवी. (iii) शिकोवप/संशोधन/ उद्देगीक क्षेत्रांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय, जातूंत 2 वर्सां पीएच.डी पुराय केल्या उपरांत 2 वर्सांचो अणभव आवश्यक आसा.
(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः** मराठीचें गिन्यान

**7. सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in) :**

**(i) सिव्हील अभियात्रिकी (Civil Engineering) ..... 2 पदां (1 अनुसूचीत जमाती खातीर आरक्षीत)**

**(ii) माहिती तंत्रज्ञान (Information Technology) ..... 3 पदां (1 हेर मागास वर्गा खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाचे योग्य ते शाखेंतल्यान पयले श्रेणीची बी.ई ( B.E.) / बी.टॅक ( B.Tech.) आनी ऍम.ई (M.E.) /ऍम.टॅक (M.Tech.) वा तत्सम एक तर (B.E.) / बी.टॅक (B.Tech.) वा ऍम.ई (M.E.) /ऍम.टॅक (M.Tech.)

**टीपः वयल्या उद्देशाक 'संबंदीत' म्हणल्यार जे शाखेंत हें पद भरतले वा अशे हेर शाखेंत जंय विशयाचो आसपाव आशिल्ल्याचो प्रात्यक्षीक पुरावो आसतलो.**

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः** (i) मराठीचें गिन्यान